# भारत सरकारच्या/गोंय सरकार 2014-15तल्यो येवजणो आनी कार्यावळीं विशीं....

# शेतकार मित्र पुस्तिका



शेती संचालनालय

"कृषी भवन"

टोंक, करंजळे – गोंय

फोन क्रमांक

(0832) 2465840, 2465443, 2465845

फॅक्स क्रमांक (0832) 2465441

इमेल – dir-agri.goa@nic.in

ही पुस्तिका कित्याक?

शेतकाऱ्यांच्या फायद्याखातीर भारत सरकाराचें शेती आनी सहकार खातें राज्य सरकारावरवीं वेगवेगळ्यो शेती उदरगत येवजणो चालीक लायता. हातुंतल्या दरेक येवजण्यांचीं मार्गदर्शक तत्वां आनी ताच्या खाला जारी केल्लें परिपत्रक/म्हायती, हे येवजणेखाला प्रसार केल्ल्या वेगवेगळ्या घटकांचे प्रकार आनी लावाच्या मर्यादेची संबंदीत म्हायती दिता. वेगवेगळ्या कार्यावळी आनी येवजण्यांची मार्गदर्शक तत्वां आनी हेर म्हायती http://agricoop.nic.in/guidelines.html आनी http://agricoop.nic.in/programmesscheme.html ह्या संकेतथळाचेर उपलब्द आसा. संकल्पना, येवजण्यो आनी आदाराच्या प्रकाराचेर आदारीत येवजण्यो आनी कार्यावळींची सोदून काडपी तपशील http://agricoop.nic.in/schemesinfo.html ह्या संकेतथळाचेर उपलब्द आसात.
कांय फावटीं शेती कामकाजाच्या एकाच घटकाक वेगवेगळ्या येवजणेखाला समान लाव मेळूंक शकता. देखीक, राज्यांतल्या वेगवेगळ्या जिल्ल्यांतले शेतकार एकाच पिकाच्या बियाणाखातीर राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा मोहीम, एनएमओओपी खाला अनुदान घेवंक शकतात. अनुदान प्रशासनाची गुंतागूंत सुटावी करूंक आनी अर्थीक नेम विस्तारीत कामगारांक आनी शेतकारांक समजुचे म्हूण हे पुस्तिकेंत येवजण वा कार्यावळीप्रमाण म्हायती बदला घटका-प्रमाण म्हायती दिल्या.
ही पुस्तिका वेगवेगळ्या कार्यपद्धतींचें 11 वेगवेगळ्या संकल्पनांनी विभाजन करून तयार केल्या. त्यो म्हळ्यार मातयेची भलायकी, मातयेचे संवर्धन आनी सारें, बियाणीं, शिंपणावळ, शेतकारांखातीर प्रशिक्षण आनी विस्तार, यंत्रां आनी तंत्रगिन्यान, शेती रीण, शेती विमो, पिकाचें संरक्षण, फलोत्पादन, शेती विपणन आनी एकत्रित शेती. हे खेरीज, दरेके संकल्पनेच्या प्रात्यक्षीक आंगांचेर विस्तृत सुचोवण्यो आस्पावीत केल्यात. ताका लागून प्रत्येक संकल्पनेचे तीन आंगांनी विभाजन केलां. त्यो म्हळ्यार 'कितें करप?', 'तुमका कितें मेळपाक शकता?' आनी 'कोणाक संपर्क करप?'

केंद्र सरकाराच्यो येवजणो तांचे अमलबजावणेची मर्यादा लक्षांत घेवन विस्तृतपणान दोन प्रकारच्यो आसात.
**1) पुराय देशाखातीरः** ह्या येवजण्यांनी राष्ट्रीय कृशी विकास येवजण (राज्यांखातीर पात्रतेच्या निकशाच्या अधीन), राष्ट्रीय इ-प्रशासन येवजण- शेती, शेती विस्तार आनी तंत्रगिन्यान राष्ट्रीय मोहीम, आदी हांचो आस्पाव आसा. हे सारकिल्या देशव्यापी येवजण्यांखाला, राज्य सरकार कार्यरत मार्गदर्शक तत्वांप्रमाण वाटून दिल्ल्या निधी अंतर्गत शेतकार वेंचता आनी ह्या सारकिल्या लावार्थ्यांक अर्थीक मजत दिता.

**2) ठरावीक वाठार/पीक/जिल्ल्यांखातीरः** हेर सगळ्यो येवजणो ह्या गटांत येतात. तातूंत राष्ट्रीय अन्न सुरक्षा मोहीम, फलोत्पादनाची एकत्रित उदरगत मोहीम (एमआयडीएच), तेलबीया आनी तेलताडाचेर राष्ट्रीय मोहीम (एनएमओओपी), कपड्यां तंत्रगिन्यान मोहीम, ताग आनी मेस्तां तंत्रगिन्यान मोहीम आनी पुर्व भारतांत हिरवळ क्रांती हाडप (बीजीआरइआय) आदी येवजण्यांचो आस्पाव आसा. एखादी येवजण तुमच्या जिल्ल्याक लागू जाता ना तें पळोवपाक, उपकार करून http:/dacnet.nic.in/schemes.aspx. संकेतथळार वचात. ह्या येवजणांखालचे लावार्थी, नेमाप्रमाण आनी अर्थसंकल्पांच्या उपलब्धतायेप्रमाण वेंचतात.

हे शेतकार मित्र पुस्तिकेंत 12व्या आराड्याच्या काळांत लागू जावपी येवजण्यां प्रमाण फकत भारत सरकारान दिल्ल्या मजतीच्या घटकांची म्हायती दिता. कांय राज्यां, वांठाराचो शेती उदरगत स्थर आनी शेतीच्या हवामान स्थितीच्या प्राधान्याच्या आदाराचेर भारत सरकाराच्या नेमाप्रमाण अर्थीक मजत दितात. हाचे पयलीं कांय राज्यांनी तांच्या राज्यांखातीर लागपी ह्याच प्रकारची पुस्तिका तयार केल्ल्यो. प्रत्येक संकल्पना/ घटका खाला मेळपी एकूण अर्थीक आदाराची म्हायती शेतकारांक मेळची म्हूण ह्या सारकील्या आदारांत राज्य घटक आस्पावीत केल्या उपरांत प्रत्येक राज्याक प्रादेशीक भाशेंत (कांय इंग्लीश प्रता सयत) ताजी आवृत्ती प्रकाशीत करपाक शेती आनी सहकार खातें (डीएसी) एटीएमए कॅफेटेरिया खाला अर्थीक आदार दितले. तो मेरेन संबंदीत राज्य सरकार अतिरिक्त मजत दिता आसत जाल्यार ते विशीं म्हायती मेळोवंक शेतकार राज्यांतल्या लागींच्या शेती/ फलोत्पादन खात्याच्या कार्यालयाक संपर्क करूंक शकतात.

**फलोत्पादन**

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश/ कमाल मर्यादा | राज्य /केंद्रीय येवजण्यो घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | केळी, अनस आनी पोपायेच्या लागवडी खातीर आदार | 75% अनुदान, हॅक्टरा फाटल्यान 67500/- रुपया. | राज्याखाला फळां लागवडी खातीर फलोत्पादन विकास आदार आनी एन एच एम |
| 2 | फुलां लागवडी खातीर आदार. (कंदीय फुलां) | 75% अनुदान, हॅक्टरा फाटल्यान 75000 रुपया. | राज्याखाला फुलां लागवडी खातीर आदार आनी एन एच एम |
| | सुटी फुलां लागवडी खातीर आदार | 75% अनुदान, हॅक्टरा फाटल्यान 45000 रुपया. | |
| 3 | आंबो, चिकू, जायफळ, काजु, भिंडां, पेरां आदी फळां आनी मसाल्यांच्या लागवडी खातीर आदार. | 75% अनुदान, हॅक्टरा फाटल्यान 30,000 रुपया. | फळां आनी मसाल्यांच्या लागवडी खातीर आदार |
| 4 | काजुच्या लागवडी खातीर आदार | 75% अनुदान, हॅक्टरा फाटल्यान चडांत चड 30,000/- रुपया, तीन वर्सांच्या हप्त्यांनी. | राज्याखाला काजुखातीर जाग्याचो विस्तार आनी एनएचएम. |
| 5 | पोन्नी, मरपाक पाविल्ल्या काजींच्या जाग्यार नवीं गार्फां लावपाक आदार. | 50% अनुदान आनी चडांत चड 20,000/- रुपया. | पोन्न्या काजुंच्या झाडांक पुर्नजीवन/पुर्नस्थापन |
| 6 | सैमीक आपत्तीक लागून लुकसाण जाल्ल्या शेतकारांक लुकसाण भरपाय. | दर एका पिकाखातीर थारायल्ल्या दरा प्रमाण हॅक्टरा फाटल्यान चडांत चड 15 हजार रुपया आनी कमींत कमी 1 हजार रुपया आनी चडांत चड 1 लाख रुपया वा निर्धारीत खर्चाचे 25 टक्के. | शेतकरी आदार निधी |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 7 | पयलीच थारायिल्ल्या दरांत शेतकारां कडल्यान भाजी घेवप. | पयली थारायल्ल्या दरांत विक्री केंद्रांतल्यान विकत घेवप. | भाज्यांची खरेदी |
| 8 | ग्रामीण भागांतल्यान घराब्यांक फळां आनी मसाल्यांची वाटणी | 1 वा 2 फळां वा मसाले रोपे फुकट वाटप. | घरांत तयार केल्ल्या बागांनी फळां रोपे वाटपाक आदार. |
| 9 | नाल्ल आनी हेर थळावे प्रकार रोंवपाक आदार | 160 माडांखातीर हेक्टरा फाटल्यान 30 हजार, दोन वर्सांच्या हफ्त्यांनी. | नाल्ल उदरगत मंडळ/नाल्ल रोवपाक आदार |
| 10 | संकरीत प्रकारांच्या नाल्लांची लागवड करपाक आदार. | 160 माडांखातीर हेक्टरा फाटल्यान 40 हजार, दोन वर्सांच्या हफ्त्यांनी. | नाल्ल उदरगत मंडळ |
| 11 | पॉली हावस/शॅड नॅट हावसांत फळां आनी भाज्यो पिकोवपाक आदार | अ) चडांत चड 0.4 हॅक्टर मेरेन एका लाभदाऱ्याक नियमीत खर्चा मेरेन सिमीत बांदकामा फाटल्यान 100 टक्के मेरेन अनुदान.<br>ब) नियमीत खर्चा मेरेन सिमीत रोवपाच्या सामुग्री फाटल्यान 50 टक्के मेरेन अनुदान. | फुलां आनी भाज्यो रोवपाक आदार. राज्य आनी एनएचएम/ एनवीआययुसी. |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 12 | माडांचे पीक सुदारपाखातीर खत आनी पोषक तत्वां. | पात्र शेतकारा खातीर हेक्टरा फाटल्यान 15,000 कमीत कमी 0.1 हॅक्टर आनी चडांत चड 2.00 हॅक्टर वाठार | माडांची बागायत विकसीत करपाक आदार. |
| 13 | काजुचे पीक सुदारपाखातीर प्रात्याक्षीकां आनी माती आनी उदक संवर्धन | हॅक्टरा फाटल्यान 15000 रुपया | आरकेवीवाय खाला काजुचे पीक सुदारप. |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 14 | भाज्यो विकपाक गाड्यांचेर सुवात | जिएसएचसीएल शेतकारांच्या पिकांच्या विक्री खातीर सुवात दिता. | भाज्यांक प्रोत्साहन दिवपाक खात्रीपुर्वक बाजार |
| 15 | नोंदणीकृत वेपाऱ्यांक सुपारी विकून शेतकारांक खात्रीपुर्वक दर मेळोवन दिवपाक आदार दिवप.. | पयल्या प्रकाराखातीर 170 रुपया किलो आनी चडांत चड 20 रुपया किलो. हेर विभागांखातीर 120 रुपया किलो आनी चडांत चड 10 रुपया किलो. | शेती उत्पन्ना खातीर खात्रीपुर्वक दर. |
| 16 | नोंदणीकृत वेपाऱ्यांक नाल्ल विकून शेतकारांक खात्रीपुर्वक दर मेळोवन दिवपाक आदार दिवप. | एका शेतकाराक 5 हॅक्टर जमनींत चडांत चड 50 हजार आनी कमीत कमी 500 नाल्लांखातीर खात्रीपुर्वक 8 रुपयांचो दर आनी मार्केट यार्डान थारावन अधिसूचीत केल्ल्या सादारण दरा मदलो फरक, जो चड आसा तो. | शेती उत्पन्ना खातीर खात्रीपुर्वक दर. |
| 17 | नोंदणीकृत वेपाऱ्यांक काजु विकून शेतकारांक खात्रीपुर्वक दर मेळोवन दिवपाक आदार दिवप. | 5 हॅक्टर जाग्यांत एका लाभदाऱ्याक चडांत चड 2000 किलो आनी कमीत कमी 50 किलो फाटल्यान 100 रुपया असो वास्तवीक दर आनी खात्रीपुर्वक दर हांच्यो मदलो फरक | शेती उत्पन्ना खातीर खात्रीपुर्वक दर. |
| 18 | गोदरेज एग्रोवेट लिमीटेड हांका विकील्ल्या पाम तेलाखातीर खात्रीपुर्वक दर मेळपाक शेतकारांक आदार दिवप. | जीओपीपीएमसीन एका टना फाटल्यान अधिसूचीत केल्लो दर आनी एफएफबीच्या टना फाटल्यान 9000 ह्या दरा मदलो फरक | शेती उत्पन्ना खातीर खात्रीपुर्वक दर. |

| | | | |
|---|---|---|---|
| 19 | थळाव्यो आनी संकरीत भाज्यो रोंवपाक शेतकारांक आदार. | बियांचेर 50 टक्के अनुदान | भाज्यांच्या बियांखातीर आदार |
| 20 | वर्मी कंपोस्ट विभाग (एचडीपीई वर्मी बॅड) | 50 टक्के अनुदान, विभागा फाटल्यान 8000 रुपया. | सेंद्रीय शेती खातीर आदार- एनएचएम |
| 21 | भाज्यांच्यो बियो आनी हेर सामग्री खातीर आदार (संकरीत आनी उक्ते परागण) | संकरीत बियांखातीर हॅक्टरा फाटल्यान 100 टक्के अनुदान आनी 33,750 रुपया आनी उक्त्या परागणाखातीर हॅक्टरा फाटल्यान 22,500 रुपया. | भाज्यो रोवपाखातीर आदार- एनविआययुसी |
| 22 | म्होंव उत्पन्न आनी विज्ञानीक तरेन पारंपारीक आदिवासी धंदे विकसीत करपाखातीर आदार. | सामान्याखातीर 75 टक्के अनुदान आनी अनुसुचीत जाती जमाती खातीर 90 टक्के अनुदान, सामान्याखातीर 2.07 लाख आनी अनुसुचीत जाती जमाती खातीर 2.48 लाख. | म्होंव काडपाक म्होंवामुस पोसपाखातीर प्रोत्साहन. |

## शिंपणावळ

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश/ कमाल मर्यादा | राज्य येवजण्यो/ घटक |
|---|---|---|---|
| 1(अ) | शिंपणावळ खातीर नवो पंप संच बसोवपाखातीर आदार | सामान्य खर्चाचेर 90 टक्के अनुदान | शिंपणावळ साधन सामुग्री तयार करपाखातीर आदार. |
| ब) | पोन्नो पंप संच बदलपाखातीर आदार | सामान्य खर्चाचेर 50 टक्के अनुदान | |
| क) | 5 एचपी वयर पंप संच आनी अतिरीक्त सामुग्री खातीर | सामान्य खर्चाचेर 50 टक्के अनुदान | |
| 2 | अ) ड्रीप शिंपणावळ प्रक्रिया स्थापन करपाखातीर | 90 टक्के अनुदान | सुश्म शिंपणावळ- राज्य आनी केंद्र |
| | ब) स्प्रींकलर प्रक्रिया स्थापन करपाखातीर | 70 टक्के अनुदान | |
| 3 | मुखेल स्त्रोत ते कमीत कमी 0.1 हॅक्टर आशिल्ले शेता मेरेन उदक व्हरपाखातीर पायपां घालपाक आदार | 50% ते 25000/- रुपया मर्यादा एका शेतकारा फाटल्यान | उदक पुरवणे खातीर पायपलायन घालपाक आदार |
| 4 | उदकाचो उणाव भरून काडपाक सुवीधा निर्माण करपाक आदार. | 50% अनुदान 80 हजार रुपयांची मर्यादा कमींत कमी 15 क्युबीक मिटर आनी चडांत चड 100 क्युबीक मिटर पुरवठो. | उदक साठोवपी टँक बांदपाक आदार. |
| 5 | कमीत कमी 0.2 हॅक्टर जाग्यांत शिंपणावळ बांय मारपाक आनी बांदपाक शेतकाराक आदार. | सामान्य खर्चाचे 75% खर्च वा 1.50 लाख एका बांयेफाटल्यान. | बाय मारपाक आनी बांदपाक आदार |

## शेती विज्ञान

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश/ कमाल मर्यादा | राज्य /केंद्र येवजण्यो /घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | अदीक उत्पन्न आनी अन्न धान्य पिकांच्या उत्पन्ना खातीर आनी राज्यांत अन्न सुरक्षा येवची म्हणून गुणवत्ता प्रमाणीत बियांची उपलब्दताय. | 2 हॅक्टर मेरेन मर्यादीत बियांचेर 50 टक्के अनुदान | गुणवत्ता प्रमाणीत बियांखातीर आदार |
| 2 | यांत्रीक पुर्नलावणी सारकेल्ले तंत्र वापरुन वेळ वाचोवपी शेती तंत्राचो प्रसार | 1 लाख मेरेन मर्यादीत 50 टक्के अनुदान | सुदारीत तंत्रज्ञानाक प्रोत्साहन |
| 3 | तांदुळ सघन प्रणालींतल्यान (एसआरआय) शेतकारांक सुदारीत तंत्रज्ञान वापरपाखातीर भरपाय दिवपाक प्रो रेटा तत्वाचेर आदार दिवप. | एका हॅक्टराफाटल्यान 10000 रुपया आनी कमीत कमी 0.1 हॅक्टर | एस आर आय शेतकारांखातीर तांदुळ सघन प्रणाली |
| 4 | अ) पाळीव तशेंच रानटी जनावरां पासून पीक सुरक्षीत दवरपाखातीर सहाय्य आनी तातूंत शेतकार वा शेतकारांचो पंगड दिल्ल्या सुचींतल्यान आपल्याक कसलो आडो घालपाक जाय ते वेंचपाक शकता. | सामान्य वर्गाखातीर 75 टक्के अनुदान | आडो बांदपाक अनुदान |
| | | अनुसुचीत जाती जमाती खातीर 90 टक्के अनुदान | |
| | ब) 40 टक्के राज्य वांटो आनी 50 टक्के केंद्रीय वांट्यातल्यान सॉलर फेन्सींग (आरकेवीवाय) | एका मनश्याक 2 लाख मेरेन मर्यादीत 90 टक्के अनुदान | आरकेवीवाय आनी राज्या खाला सॉलर पावर बॅटरी आडो |
| 5 | सहकारी संस्थांक विकपाच्या अळसांद्याच्या पिका खातीर | एका शेतकाराक 800 किलो मेरेन मर्यादीत | अळसांद्याखातीर खात्रीपुर्वक दर |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | शेतकारांक खात्रीपुर्वक दर मेळचो म्हण आदार | वास्तवीक दर आनी रू. 70 ह्या खात्रीपुर्वक दरा मदलो फरक | |
| 6 | उसाच्या पिकाक खात्रीपुर्वक दर मेळचे म्हण शेतकारांक आदार | साखर कारखान्यान घोशीत केल्लो टना फाटल्यान आनी 2400 आनी वास्तवीक दरा मदलो फरक | उसा खातीर खात्रीपुर्वक दर |
| 7 | नियोजीत भात विकत घेवपी यंत्रणाक भात विकपी शेतकारांखातीर आदार | हॅक्टरा फाटल्यान 5000 किलो मर्यादीत वास्तवीक दर आनी खात्रीपुर्वक 17 रुपयांच्या दरा मदलो फरक | भाताखातीर खात्रीपुर्वक दर |
| 8 | भात, कड्डणां आनी शेंगदाण्याच्या नव्या आनी विकसीत बियांची वांटणी | चांचणी खातीर बियांची फुकट वांटणी | बियांच्या ल्हान संचांची वाटणी |
| 9 | एका म्हयन्याच्या ल्हान उसाच्या रोप्याचे वाटप | हॅक्टरा फाटल्यान 12,500 रुपयांचे अनुदान | उसाच्या बियांचे शेत स्थापन करप |
| 10 | शेतकारांक बियो, जैविक खत अशी सामुग्री दितात. | हॅक्टरा फाटल्यान 12 हजार रुपया | आर के वी वायखाला शेंगदाण्यांची लागवड |
| 11 | अनुदानीत दरांत बियांची विक्री | 50 टक्के अनुदान | बियांची वाटणी |
| 12 | तीन पांवड्याचेर 40 शेतकारांच्या पंगडांक शेंगदाण्याच्या शेतीचेर प्रशिक्षण दितात. | 20 हजार रुपया प्रति प्रशिक्षक | प्रशिक्षण |

**शेतकारांक प्रशिक्षण आनी विस्तार**

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश/ कमाल मर्यादा | राज्य /कैंद्र येवजण्यो /घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | कुशळटाय विकास आनी शेती प्रक्रिये विशी 20 गांवगिऱ्या तरणाट्यांक 2 म्हयन्याखातीर प्रशिक्षण | प्रशिक्षणा वेळार दिसवडो म्हणून दर एका प्रशिक्षणार्थ्याक 300 रुपया | शेतीत मनीस संसाधन विकास.<br>शेतींत कुशळटाय विकास. |
| 2 | शेती भीतर देखरेख आनी शेती यंत्रा चलोवपा संबद्दान 25 जाणांक प्रशिक्षण | एका प्रशिक्षणार्थ्याक 300 रुपया | शेती यंत्रा वापरपात कुशळटाय |
| 3 | शेतकारांक, बिगर सरकारी संस्थांक आनी विद्यार्थ्यांक म्हत्वाचे आशिल्ले शेती संबद्दान जायत्या म्हत्वाच्या विशयांचेर म्हायती दिवपाक 25 प्रशिक्षणार्थ्यांक 2 दिसांचे प्रशिक्षण | एका प्रशिक्षणार्थ्याक 300 रुपया | परिसरा भायर प्रशिक्षण |
| 4 | शेती आनी घर विज्ञान थळाव्या समस्यां संबद्दान, शेतकार/जमीन धारक/शेती कर्मच्यारी, विद्यार्थी आदी ज्यांक ह्या विशयाचेर रस आसा अश्या 20 ते 40 शेतकारांखातीर 1 दिसाचे प्रशिक्षण | प्रशिक्षणाखातीर 9000 रुपया. | परिसरा भायर प्रशिक्षण |
| 5 | नव्यो प्रक्रिया शिकपाखातीर शेतकारांक राज्याभितर दौरो | एका प्रशिक्षणार्थ्याक 200 रुपया | शेतकारांक राज्याभितर दौरो |
| 6 | राज्या भायर 5-6 दिसांखातीर 90 शेतकारांक 3 गटांनी दौरे | 600 रुपया दिसाक आनी 3 टायर एसी भाडे | शेतकारांक राज्याभायर दौरो |
| 7 | खाते, बिगर सरकारी संस्था, | 50 टक्के खर्च 5 | कार्यशाळा/प्रदर्शन/परिशदी |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | शेतकरी क्लबांखातीर शेती संबद्दीत विशयांचेर प्रदर्शन घडोवन हाडपाक | लाख रुपया मेरेन. | |
| 8 | गोंयच्या 8 विद्यार्थ्यांक शेती आनी हेर संवंदीत विशयांचेर अभ्यासक्रम शिकपाक आर्थीक आदार दितात. | 2000 रुपया मेरेन स्टायपंड आनी एका विद्यार्थ्याक वर्साक 10000 रुपया मरेन दितात. | शेती विशयांत शिक्षण घेवपाक आदार |
| | शेती- 5 जागे | | |
| | फलोत्पादन- 2 जागे | | |
| | बी.टेक- 1 जागो | | |
| 9 | गोंयच्या विद्यार्थ्यांखातीर पदव्युत्तर शिक्षण | म्हयन्याक एका विद्यार्थ्याक 3000 रुपया स्टायपंड | पदव्युत्तर शिक्षणा खातीर आदार. (एम.एम.सी (शेती) (फलोत्पादन)) |
| 10 | शेतीचो प्रसार करपाखातीर बिगर सरकारी संस्था, फार्मर क्लब हांचे प्रशिक्षण कार्यक्रम | 50 टक्के खर्च वा 20 हजार रुपया | शेती प्रशिक्षण केंद्रा खातीर आदार |
| 11 | गोंय मुक्ती दिसा दर वर्सा शेतकारांखातीर प्रोत्साहन | रोख इनामां | राज्य शेती पुरस्कार |
| | | कृषी रत्न- 2 लाख | |
| | | कृषी विभुशण- 1 लाख | |
| | | कृषी भुशण- 50 हजार | |
| | | फादर इनासियो आल्मेदा- 50 हजार | खास शेती पुरस्कार |

**यंत्रा आनी तंत्रज्ञान**

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश/ कमाल मर्यादा | राज्य/ केंद्र येवजण्यो /घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | सरकारी यंत्रणा वा नोंदणीकृत यंत्रणा, व्यक्ती हांचे कडल्यान ट्रेक्टर वा ल्हान ट्रेक्टर भाड्याक घेतना भाड्याच्या दराचेर अनुदान | सामान्य दराचेर 50 टक्के अनुदान | शेती यंत्रा वापरांत सानुकूल सेवेंत अनुदान |
| 2 (i) | ट्रान्सप्लांटर, ट्रेक्टर, पॉवर टिलर, स्प्रेयर, वीडकटर, ज्युसर एक्टट्रेक्टर, मिनी टिलर, हातान वापरपाचो, विजेर वापरपाचो आदी यंत्रा विकत घेवपाक आदार | सामान्य शेतकारांक सामान्य दर आनी वास्तवीक दर जे कमी आसत ताचेर 75 टक्के अनुदान आनी अनुसुचीत जाती जमातींक 90 टक्के अनुदान. | शेतीत यंत्रा वापरपाक प्रोत्साहन आनी शेती यंत्रा घेवपाक आदार |
| (ii) | पॅडी कंबायन हार्वेस्टर विकत घेवपाक (बिगर सरकारी संस्था, सोसायची, क्लब), स्वयं सहाय्य गट पात्र | सामान्य दर वा वास्तविक दराचेर 75 टक्के अनुदान, जे कमी आसत ते. | शेती यंत्रा आनी साधनां विकती घेवपाक आदार. |
| (iii) | शेतकारांक उपेगी थारपी शेती प्रक्रियेंत उपकरणां, औजारां विकत घेवपाक आदार | वास्तवीक दर आनी सामान्य दर, जो कमी आसत तातूंत सामान्य वर्गाखातीर 50 टक्के अनुदान आनी अनुसुचीत जाती जमाती खातीर 75 टक्के अनुदान | शेती उपकरणां/ औजारां विकती घेवपाक आदार |
| 3 | एका वर्सात 500 वरां पुराय करपी नोंदणीकृत यंत्रणे कडल्यान घेतील्ल्या यंत्रांची देखरेख करपाक आनी सांबाळपाक. | वर्साक 40000 रुपया | सानुकूल सेवेखाला ट्रेक्टरांचो सांबाळ करपाक खासा आदार |
| 4 | चडांत चड 10 टक्के देंवती आशिल्ली जमीन सपाट करपा खातीर आनी कमीत कमी 500 क्युबीक मिटर जागो विकसीत करपाखातीर आदार. | सामान्य दराचे 50 टक्के कमीत कमी जमीन 2000 क्युबीक मिटर आनी चडांत चड 1.0 हॅक्टर | जमीन सपाट करपाखातीर आदार. |

**पिकांचे संरक्षण**

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश/ कमाल मर्यादा | राज्य /केंद्र येवजण्यो /घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | बियांत तयार जावपी किटक आनी पिकांक लागप रोग ताब्यात हाडपाक किटकनाशकांची पुरवण | बियांच्या उपचाराखातीर फुकट किटकनाशकांची पुरवण | शेतींत पिकांचो सांबाळ. बियांच्या उपचाराखातीर आदार |
| 2 | एकाग्र किटक वेवस्थापनाक प्रोत्साहन.<br>पिकां सांबाळपाक किटकनाशक/जैव किटकनाशक/विडीसायड विकत घेवपाक आदार | सामान्य वर्गाक हॅक्टरा खातीर 75 टक्के अनुदान आनी चडांत चड 24,500 रूपया आनी अनुसुचीत जाती जमाती खातीर 90 टक्के अनुदान आनी चडांत चड 5400 रूपया मेरेन. | एकाग्र किटक वेवस्थापना खातीर आदार. |
| 3 | पिकां सांबाळ करपाखातीर फवारणी यंत्रा सारकिल्ली उपकरणां विकत घेवपाक आदार. | सामान्य वर्गाखातीर 75 टक्के आनी अनुसुचीत जाती जमातीं खातीर 90 टक्के अनुदान | शेती भितर पिक उत्पन आनी इनपुट वेवस्थापन यांत्रिकरण |

## सारें आनी खतांची उदरगत

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश कमाल मर्यादा | राज्य / केंद्रीय येवजण्यो / घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | मोठ्या / ल्हान पोशका खातीर शेतकारांच्या शेतांतल्यान माती नमुन्याचें विश्लेशण | फुकट | माती नमुन्याचें विश्लेशण |
| 2 | बिगर पारंपारीक उर्जा स्त्रोताक उर्बा. बायोगॅस युनिटांची बांदणी. | बायोगॅस प्लांटाच्या आकारा प्रमाण आदर्शमान खर्चाआड 90 टक्के सवलत | बायोगॅस प्लांट बांदपाक राज्य आनी केंद्रीय येवजणेक आदार |
| 3 | दिल्ल्या गटाक प्रेरणा दिवंक वावुरपी वाठार / कर्मचारी शेतकारांक बायोगॅसाच्या उर्बेखातीर प्रोत्याहन रक्कम मेळटले. | पुराय जाल्ल्या आनी चालीक लागिल्ल्या दर प्लांटाक 1000 रूपया | बायोगॅस प्लांटाच्या उर्बेक प्रोत्साहन रक्कम |
| 4 | मातयेची भलायकी सुदारूंक मातयेची परिस्थिती सुदारक विकत घेवंक आदार | चडांत चड 4 हॅक्टर मेरेन दर हॅक्टराक 75 टक्के सवलत वा 4500 रूपया. अनुसूचीत जात / जमात- दर हॅक्टराक 90 टक्के सवलत वा 5400 रूपया, जे कमी आसा. | मातयेची परिस्थिती सुदारकाक आदार |
| 5 | बोरोन, मॅगनेजियम सल्फेट आनी हेर अधिसुचीत सुक्ष्म पोशक सारकीले सुक्ष्म पोशक विकत घेवंक आदार | चडांत चड 4 हॅक्टर / शेतकार मेरेन 6000 रूपया वा 75 टक्के प्रती हॅक्टर. अनुसूचीत जात / जमातीच्या शेतकारांक प्रती हॅक्टर 7200 रूपया वा 90 | सुक्ष्म पोशकाच्या वापरा खातीर आदार |

| | | | |
|---|---|---|---|
| | | टक्के सवलत, जे कमी आसा. | |
| 6 | पक्का खत प्रकल्प बांदूंक आदार | कम्पोस्ट युनिटाच्या प्रती क्युबीक मीटराक 1000 रूपयाच्या मर्यादेंत 50 टक्के सवलत | सेंद्रीय खत युनिटांक आदार |
| | | अनुसूचीत जात / जमातीच्या शेतकारांक प्रती क्युबीक मीटराक 1500 रूपयाच्या मर्यादेंत 75 टक्के सवलत | |
| 7 | गांयडोळ खत प्रकल्प बांदूंक आदार | दर क्युबीक मीटर 75 टक्के सवलत वा 1500 रूपया, जे कमी आसा. | गांयडोळ खत प्रकल्पाक आदार. राज्य आनी केंद्राच्या येवजणे खाला |
| 8 | बियाणी, रोवूंक लागपी सामग्री, खत, किटकनाशक आदी सारकीले वेगवेगळे शेती सामग्री विकत घेवंक आनी वापरूंक अनुसूचीत जात / जमातीच्या शेतकारांक आदार | प्रती हॅक्टर 12000 रूपयांच्या मर्यादेमेरेन 75 टक्के सवलत. चडांत चड मर्यादा 2 हॅक्टर | शेती सामग्री खातीर आदार |

**माती आनी उदक संवर्धन**

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश कमाल मर्यादा | राज्य / केंद्रीय येवजण्यो / घटक |
|---|---|---|---|
| 1 | बिगर सरकारी संस्था, आप मजत गट, क्लब, सोसायटी वरवीं दोंगराचेर वा सपाट वाठारांत उदक व्हांवता अशे तरेन उदक साठोवपी बांदकामाक आदार | स्थापन केल्ले प्रती युनिटाक 18289 रूपयांचो आदार | जलकुंडाची उदरगत |
| 2 | तळे, टांकयो आदी सारकी उदका वाठारांचो गाळ काडूंक आनी नुतनीकरणाक आदार | जीएसआरा प्रमाण 100 टक्के सवलत वा लाव जावपी वाठाराच्या हॅक्टराक 70000 रूपया | तळे आनी टांकयांचो गाळ काडूंक आनी सशक्त करूंक |
| 3 अ) | सुक्या जमीन फलोत्पादन आनी वैजकी रोपा रोवपाक आदार | रोवपी सामग्रींची मुफत पुरवण | पश्चिम घाट उदरगत कार्यावळ |
| ब) | शेती प्रक्रीय युनिट आनी पारंपारीक कला आनी कारागिर उत्पादन युनिट स्थापन करप | प्रती युनिट 30000 रूपया मेरेन आदर्शमान मोलाचे 50 टक्के | " |
| क) | उताराच्या आदाराचेर जमीन उदरगती वरवीं माती आनी उदकाचें संवर्धन | आदर्शमान मोलाचें मर्यादेंत मोलाचे 50 टक्के | " |
| ड) | माती संवर्धन बांदपाक आदारः देगेर स्थिरताय, गटार बगल मार्ग खणिल्ले तळे, उदक मार्ग नियंत्रण | निश्चित आदर्शमान मोलाचे 50 टक्के | अ) संवर्धन कार्यावळ |
| ह) | उदक संवर्धनाक अर्दचंद्राकृती बांदकाम | 25 रूपया / खळी | " |
| 4 | शेतकारांक उर्बा दिवपी बसका आयोजीत करप | प्रती क्षेत्र प्रती प्रशिक्षण 50 शेतकारांक 5 प्रशिक्षण. वांटेकार जाल्ल्यांक चडांत चड 200 रूपया | पश्चिम घाट उदरगत कार्यावळ |
| 5 | शेतीचें आर्विल्लेकरणाचेर भर दिवंक कृषी महोत्सव | 500 शेतकारांक दर महोत्सवाक 1.25 लाख रूपया | " |

| क्रमांक | आदाराचो प्रकार | आदाराखातीर निकश कमाल मर्यादा | राज्य / केंद्रीय येवजण्यो / घटक |
| --- | --- | --- | --- |
| 1 | पशुसंवर्धन, डेअरी, नुस्तेमारी, सहकारी संशोधन, नोंदणीकृत शेतकार गट, बिगर सरकारी संस्था, खाजगी कंपन्या सयत शेती संबंदीच्या क्षेत्राक भौशीक खाजगी भागीदारी तत्वाचेर उत्पादन, साधनसुविदा आनी मालमत्तेच्या उदरगतीक निधी दिवप | सरकारी आदारीत प्रकल्पांक 100 टक्के आनी हेरांक 25 टक्के | राष्ट्रीय कृषी विज्ञान योजना (आरकेवीवाय) |
| 2 | ताब्यांत आशिल्ले जमनीचे वर्गीकरणा सयत सक्षम सेवा पावोपाक शेतकारांची नोंदणी | कृषी कार्ड मुफत दितात | कृषी कार्ड |
| 3 | 10 गरजू भाजयो आनी 5 गरजू सामानांचे म्हारगायेचेर उपाय म्हूण आदार | भाजयांचेर 25 टक्के सवलत आनी सामानांचेर 5 टक्के सवलत | म्हारगाय नियंत्रणाक सरकाराचे हस्तक्षेप (जीआयसीपीआर) |
| 4 | शेती आनी हेर संबंदीत कामा खातीर रीणाचेर व्याज सवलत | वैयक्तीक लाभार्थ्याक 5 वर्सांमेरेन 5 लाख रूपयांचेर रीण आनी 4 टक्क्यावेल्या व्याजाचेर सवलत | रीणाचेर व्याज सवलत |
| 5 | 500 शेतकारांक कृषी महोत्सव | 1.25 लाख रूपया | " |

# <u>खत नियंत्रण कायदो आनी आदेश</u>

खत नियंत्रण आदेश 1985 खत नियंत्रण आदेश (एफसीओ) 1985च्या 7 नेमाखाला किरकोळ/ घावुक खत विक्रेत्यांक नोंदणी प्रमाणपत्र / अधिकृतताचे पत्र जारी करता.

1. नव्या विक्रेत्यांची नोंदणीः

   अधिकृतताचे पत्र मेळोवपा खातीर प्रक्रिया आनी स्वरूप

अ) फॉर्म अ 1 नक्कलात अर्ज

ब) फॉर्म ओ खाला खत पुरवणेच्या स्त्रोताचे प्रमाणपत्र

क) विक्री सुवात / साठवण सुवात दाखोवपी सुवातेचो आराखडो / रेखाकृती

ड) खत निरिक्षकाच्यो शिफारसी

इ) घावुक विक्रेत्याक 600 रूपया आनी किरकोळ विक्रेत्याक 300 रूपयाच्या दिल्ल्या शुल्का प्रमाण सरकारी तिजोरी / पावतीक फारीक केल्ल्या तालांवाची प्रत. प्रमाणपत्र / पोचपावती तीन वर्सांच्या काळा खातीर पात्र आसतली आनी फॉर्म अ 2न जारी जातली.

2. नोंदणी प्रमाणपत्र / अधिकृतता पत्राचें नुतनीकरणः

   लागपी दस्तावेजः

अ) फॉर्म अ1 नक्कलांत अर्ज

ब) फॉर्म ओ खाला खत पुरवणेच्या स्त्रोताचे प्रमाणपत्र

क) मूळ दस्तावेज / अधिकृतता पत्र

ड) खत निरिक्षकाच्यो शिफारसी

इ) घावुक विक्रेत्याक 400 रूपया आनी किरकोळ विक्रेत्याक 200 रूपयाच्या दिल्ल्या शुल्का प्रमाण सरकारी तिजोरी / पावतीक फारीक केल्ल्या तालांवाची प्रत. समाप्ती दिसाच्या एका म्हयन्याभीतर अर्ज केल्यार घावुक विक्रेत्याक 200 रूपया आनी किरकोळ विक्रेत्याक 75 रूपयांचे उसरां शुल्क लागू जातले.

3. प्रमाणपत्र / अधिकृतता पत्रांत दुरूस्ती

अ) साद्या कागदाचेर अर्ज

ब) फॉर्म ओ खाला पुरवणेच्या स्त्रोताचे प्रमाणपत्र

क) मूळ दस्तावेज / अधिकृतता पत्र

ड) खत निरिक्षकाच्या शिफारसी उपरांत घावुक विक्रेत्याक 30 रूपया आनी किरकोळ विक्रेत्याक 20 रूपया प्रती उत्पादाचे दुरूस्ती शुल्क.

4. प्रमाणपत्राची नक्कल / अतिरीक्त प्रतः
अ) घावुक कागदाचेर अर्ज
ब) घावुक विक्रेत्याक 50 रूपया आनी किरकोळ विक्रेत्याक 20 रूपयाचे शुल्क

5. रिझोबियम, एजेटोबॅक्टर, एसेटोबॅक्टर आनी एझोसपिरीयम हे शारी खत उत्पादन, सेंद्रीय शत, गांयडोळ खत, शेतखत प्रकल्पा सारकीले सेंद्रीय खत एफसीओ 1985 खाला हाडल्यात.

वयर दिल्ल्या सेंद्रीय खत आनी शेणखत उत्पादनाक आनी विक्रीक शेती संचालनालयाकडल्यान नोंदणी प्रमाणपत्र / अधिकृतता पत्र आवश्यक आसा.

शेणखत / सेंद्रीय खत उत्पादनाक प्रमाणपत्र मेळोवपाची प्रक्रिया
1. फॉर्म ड नक्कलांत अर्ज
2. उत्पादन युनिट / साठवण सुवात दाखोवपी सुवातेचो आराखडो / रेखाकृती
3. प्रयोगशाळेंत उपलब्द आशिल्ल्या सुविदेंची वळेरी
4. एफसीओ कामकाजा खातीर नेमिल्ल्या मान्यताय दिवपी अधिकाऱ्याचें नांव आनी नामो
5. उत्पादचो विश्लेशण अहवाल
6. खत निरिक्षकाचो निरिक्षण अहवाल
7. प्रदुशण नियंत्रण मंडळ, कारखाने आनी बाश्पक खात्यांचो हरकत ना दाखलो
8. उत्तीर्ण जाल्ल्या आनी पॅकिंगाची म्हायती
9. सरकारी तिजोरी / पावतीक फारीक केल्ल्या शुल्काच्या तालांवाची प्रत

| क्रमांक | तपशील | शुल्क (रूपया) |
|---|---|---|
| **अ** | **खत नियंत्रण आदेश, 1985 खाला शुल्क** | |
| 1 | घावुक विक्रेत्याक अधिकृतता पत्र मंजूर करप | 600 |
| 2 | किरकोळ विक्रेत्याक अधिकृतता पत्र मंजूर करप | 300 |
| 3 | घावुक विक्रेत्याक अधिकृतता पत्राचे नुतनीकरण | 400 |
| 4 | किरकोळ विक्रेत्याक अधिकृतता पत्राचे नुतनीकरण | 200 |
| 5 | घावुक विक्रेत्याक अधिकृतता पत्राचे नुतनीकरणाक उसरां शुल्क | 200 |
| 6 | किरकोळ विक्रेत्याक अधिकृतता पत्राचे नुतनीकरणाक उसरां शुल्क | 75 |

| | | |
|---|---|---|
| 7 | घावुक विक्रेत्याक अधिकृतता पत्रांत दुरूस्ती | 30 दर उत्पाद |
| 8 | किरकोळ विक्रेत्याक अधिकृतता पत्रांत दुरूस्ती | 20 दर उत्पाद |
| 9 | घावुक विक्रेत्याक अधिकृतता पत्राची नक्कल / अतिरीक्त प्रत | 50 |
| 10 | किरकोळ विक्रेत्याक अधिकृतता पत्राची नक्कल / अतिरीक्त प्रत | 20 |
| **ब** | **खत मिश्रण / खासा मिश्रण / शेण खत / सेंद्रीय खताचें उत्पादन युनिटाक** | |
| 1 | खत मिश्रण / सुक्ष्मपोशक उत्पादनाक प्रमाणपत्र मंजूर करप | 1000 |
| 2 | रिझोबियम / एजेटोबॅक्टर / एझोसपिरीयम / जिणाणु विद्रव्या करपी फ्सॉफेट सारकीले शेण खत उत्पादनाक प्रमाणपत्र मंजूर करप | 1000 दर उत्पाद |
| 3 | प्रॅस मड / शार खत प्रकल्प / गांयडोळ खत प्रकल्प सारकीले सेंद्रीय खत उत्पादनाक प्रमाणपत्र मंजूर करप | 1000 दर उत्पाद |
| 4 | खताचे खासा मिश्रण उत्पादनाक प्रमाणपत्र मंजूर करप | 500 |
| 5 | रिझोबियम / एजेटोबॅक्टर / एझोसपिरीयम / जिणाणु विद्रव्या करपी फ्सॉफेट सारकीले शेत खत उत्पादनाचे प्रमाणपत्राचे नुतनीकरण | 500 दर उत्पाद |
| 6 | खत मिश्रण / सुक्ष्मपोशक उत्पादनाचे प्रमाणपत्राचे नुतनीकरण | 500 |
| 7 | खत मिश्रण / सुक्ष्मपोशक / शेत खत / सेंद्रीय खत उत्पादनाचे प्रमाणपत्रांत दुरूस्ती | 200 दर उत्पाद |
| 8 | खत मिश्रण / सुक्ष्मपोशक / शेत खत / सेंद्रीय खत उत्पादनाचे प्रमाणपत्राचे नुतनीकरणाक उसरां शुल्क | 100 |
| 9 | खत / मिश्रण / खासा मिश्रण / सुक्ष्मपोशक / शेत खत / सेंद्रीय खत उत्पादनाचे प्रमाणपत्राची नक्कल / अतिरीक्त प्रत | 100 |
| क | बिगर आदर्श खताची विक्री | |
| 1 | सेंद्रीय / शेत खत / सेंद्रीय खतांत बिगर आदर्श खताच्या विक्रीक अधिकृतता मंजूर करप | |
| अ) | 20 टन मेरेन साठो | 200 |
| ब) | 20 टनापरस चड साठो | 200 |

**किटकनाशक कायदो, 1968**

**किटकनाशक कायदो, 1968 चालीक लावप**

**1. उत्पादन परवानो जारी करप**

किटकनाशक तयार करपी उत्पादक वा उत्पादन करपाक इत्सूक आशिल्ल्यान केंद्रीय किटकनाशक मंडळ आनी नोंदणी समितीकडल्यान (सीआयबी आनी आरसी) उत्पादन करपाक इत्सूक आशिल्ल्या उत्पादाचें नोंदणी प्रमाणपत्र घेवचे.

**प्रमाणपत्र / परवानो मेळोवपाक प्रक्रिया आनी स्वरूप**

अ) नव्या परवान्याक फॉर्म 3 आनी उत्पादन जावपी किटकनाशकाच्या नोंदणी, तज्ञांची नांवां, सुरक्षा तरतुदी आदीची म्हायती दिवपी परवान्याच्या नुतनीकरणाक फॉर्म 4तल्यान अर्ज करात
ब) प्रत्येक उत्पादनाच्या सुवातीक चडांत चड 500 रूपयाच्या अधीन उत्पादन जावपी प्रत्येक किटकनाशकाक 50 रूपयांचे शुल्क फारीक करचे पडटलें
क) परवानो चडांत चड दोन वर्सांखातीर पात्र आसतले, 31 डिसेंबर ताची समाप्ती तारीक आसतली

**3. किटकनाशकाच्या विक्री वा वितरणाक, विकपाक, साठो वा प्रदर्शन परवानो जारी करप**

किटकनाशकाचो वेपार करपाक इत्सूक आशिल्लो व्यक्ती / किटकनाशक विक्रेते

**प्रमाणपत्र / परवानो मेळोवपाक प्रक्रिया आनी स्वरूप**

अ) नव्या परवान्याक फॉर्म 6 आनी सद्याच्या परवान्याचे नुतनीकरण करपाक फॉर्म 7
ब) पात्र प्रधान प्रमाणपत्र दियात (उत्पादकाकडल्यान)
क) प्रत्येक साठो / विक्री आदीक चडांत चड 300 रूपयाच्या अधीन किटकनाशकाक 20 रूपयांचे शुल्क फारीक करचे पडटलें
ड) परवानो चडांत चड दोन वर्सांखातीर पात्र आसतले, 31 डिसेंबर ताची समाप्ती तारीक आसतली

**3. रोपांची भलायकी प्रमाणपत्र**

देशाभायल्यान बियाणी, रोपा लावपी सामग्री, फळां आदी घेवपाक इत्सूक आशिल्ले व्यक्ती.

**प्रमाणपत्र / परवानो मेळोवपाक प्रक्रिया आनी स्वरूप**

आयात जावपा आशिल्ल्या सामग्रीची विज्ञानीक नांवासयत दिल्ल्या स्वरूपांत म्हायती दिवपी अर्ज

पॅकेजीचे वर्णन आनी आंकडोः

मूळ स्थान, वाहनाचो प्रकार आनी प्रवेश जावपी बंदर (शार आनी देश)

सहाय्यक दस्तावेजः
विभागीय शेती अधिकारी, फार्म अधिक्षक आदी सारकील्या सक्षम अधिकारीणी कडल्यान खरेदी / संपादनाचो स्त्रोत आनी संक्रमणा आड उपचार.

**गोंय फळां आनी सजावटी रोपा नर्सरी कायदो, 1995**

**1. नर्सरी खातीर नोंदणी प्रमाणपत्र 5 वर्सांखातीर पात्रः**

प्रचार करपी आनी रोपां सामग्रीचो वेपार करप्यांनी फॉर्म अ खाला विभागीय शेती अधिकाऱ्याक अर्ज करचो, हो अर्ज तो पुराय प्रक्रिया जाल्या उपरांत परवानो दिवपी अधिकारीणीकडेन धाडटलो.

वेपार करप्यान पुरवण करप्याकडल्यान पात्र परवान्याची प्रत दिवची पडटली.

परवानो शुल्क 100 रूपया

**2. नोंदणीचे नुतनीकरण 5 वर्सांखातीर पात्र**

नोंद जाल्ल्या सगळ्या नर्सरींनी पांच वर्सां उपरांत फॉर्म क खाला नर्सरी परवान्याचे नुतनीकरण करपाक जाय.

नुतनीकरण शुल्क 1000 रूपया

### 3. दुरूस्ती

कसलीय दुरूस्ती जाय, देखीक सुवातींत बदल, नांवांत बदल, अतिरीक्त रोपा वा रोपा रद्द करपाक जाय, जाल्यार दुरूस्ती खातीर विभागीय शेती अधिकाऱ्यावरवीं शेती खात्याक अर्ज करपाक शकता.

दुरूस्ती शुल्क 100 रूपया

**येवजणो / तंत्रिक म्हायती खातीर**

शेती खात्यांत कोणाक संपर्क करप.

| क्रमांक | विशय | संपर्क करपाचो अधिकारी | फोन क्रमांक |
|---|---|---|---|
| 1 | शेतकी संचालक | श्री ऑर्लांडो रोड्रीगीस | 2465443/2465840 |
| 2 | जिल्लो अधिकारी (उत्तर) | श्री उल्हास पै काकोडे | ″ |
| 3 | जिल्लो अधिकारी (दक्षिण) | श्री लॅरी बार्रेटो | 2735079 |
| 4 | फार्म, प्रशिक्षण, संशोधन, भौशीक निवारण, प्रकाशन | श्री उल्हास पै काकोडे, शेती उप संचालक (फार्म) | 2465443 / 2465840 |
| 5 | फलोत्पादन उदरगत कार्यावळी, शिंपणावळ | श्री सतीश सी देव, शेती उप संचालक(शेती विज्ञान) | ″ |
| 6 | धान्य उदरगत, उस, बँकींग मुद्दे | | ″ |
| 7 | वनस्पती संरक्षण, किट, खत, एससी / एसटी कार्यावळी | श्री यादवेंद्र एन देसाय, शेती उप संचालक (डब्लुएस) | ″ |
| 8 | उदका विभाजन उदरगत/ यंत्रीकरण, तळ्यातलो गाळ काडप | | ″ |
| 9 | मात संवर्धन विभाग / बांधाची दुरूस्ती, कार्यावळी | श्री पी बी अक्की, कार्यकारी अभियंतो, एससीडी | ″ |
| 10 | शेती यंत्रा | श्री एन जी दाभोळकार, पालवी शेती संचालक(ए.इ) | ″ |
| 11 | नियोजन आनी अर्थसंकल्प / दक्षता अधिकारी | श्री चिंतामणी बी पेर्णी, पालवी शेती संचालक(पी आनी इ) | ″ |
| 12 | प्रशासकी मुद्दे | श्री एस पी सिग्नापुरकार, शेती उप संचालक(प्रशासन) | ″ |
| 13 | लेखा मुद्दे | श्रीमती तेरेझा फेर्नांडीस, लेखा अधिकारी | ″ |
| 14 | भौशीक म्हायती अधिकारी (पी.आय.ओ) | श्री उल्हास पै काकोडे, शेती उप संचालक (फार्म) | ″ |
| 15 | भौशीक निवारण अधिकारी | श्रीमती एना डायस कामरा, पालवी शेती अधिकारी (फलोत्पादन) | ″ |

कृषी विज्ञान केंद्र, दक्षिण, मडगांव – गोंय, विभागीय शेती कार्यालय / फार्म अधिक्षक / तंत्रिकी पिकावळ कार्यालयाचे फोन क्रमांक.

| | | |
|---|---|---|
| 1 | कार्यावळ समन्वयक, कृषी विज्ञान केंद्र, दक्षिण, मडगांव – गोंय | 2704201 |
| 2 | वेवस्थापकी संचालक, गोंय राज्य फलोत्पादन म्हामंडळ, कुळागर टोंक, करंजळे – गोंय | 2461204 / 02 |
| 3 | पालवी शेती संचालक (एफटी), शेतकार प्रशिक्षण केंद्र, एला पोन्ने गोंय | 2285325 / 2284119 |
| 4 | विभागीय शेती अधिकारी, वाळपय | 2374246 |
| 5 | विभागीय शेती अधिकारी, दिवचल | 2362128 |
| 6 | विभागीय शेती अधिकारी, पेडणें | 2201291 |
| 7 | विभागीय शेती अधिकारी, म्हापशें | 2262368 |
| 8 | विभागीय शेती अधिकारी, तिसवाडी | 2285329 |
| 9 | विभागीय शेती अधिकारी, फोंडा | 2312119 |
| 10 | विभागीय शेती अधिकारी, सांगें | 2604253 / 2604145 |
| 11 | विभागीय शेती अधिकारी, केपें | 2662116 |
| 12 | विभागीय शेती अधिकारी, काणकोण | 2643066 |
| 13 | विभागीय शेती अधिकारी, धारबांदोडा | 2344500 |
| 14 | विभागीय शेती अधिकारी, सांखळे | 2364088 |
| 15 | विभागीय शेती अधिकारी, मडगांव | 2715005 |
| 16 | फार्म अधिक्षक कोडार | 2980681 |
| 17 | फार्म अधिक्षक कालय | 2967642 |
| 18 | तंत्रिक पिकावळ अधिकारी, टोंक | 2465446 / 2465443 |
| 19 | तंत्रिक पिकावळ अधिकारी, म्हापशें | 2262159 |
| 20 | तंत्रिक पिकावळ अधिकारी, मडगांव | 2714201 |
| 21 | तंत्रिक पिकावळ अधिकारी, कुडचडें | 2659422 |
| 22 | सरकारी फार्म मडगांव | 2715730 |
| 23 | माती चांचणी प्रयोगशाळा (उत्तर) | 2285325 |
| 24 | माती चांचणी प्रयोगशाळा (दक्षिण) | 2715730 |